**<u>कला आनी संस्कृती खात्यावतीन पद्मभूषण लक्ष्मण पै हांका आर्गां</u>**

ता. 17 मार्च 2021

कला आनी संस्कृती संचालनालयान नामनेचे चित्रकार सर्गेस्त लक्ष्मण पै हांकां आर्गां ओपली. लक्ष्मण पै फाटल्या आयतारा संवसाराक अंतरले.

लक्ष्मण पै हे नामनेचे गोंयकार चित्रकार. भारत सरकारान तांका 1985 वर्सा पद्मश्री जाल्यार 2018 वर्सा पद्मभूषण पुरस्कार भेटोवन तांचो भोवमान केला. गोंय सरकारानय तांका 2015-16 वर्सा गोमंत विभूषण पुरस्कार भेटोवन तांचो भोवमान केला. तशेंच तांका तीन वेळा ललीत कला अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला.

कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी नामनेचे चित्रकार लक्ष्मण पै हांच्या मरणाचेर दुख्ख उक्तायला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/317

--

Issued by Department of Information & Publicity